# मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं वेवसायिक सुरक्षा आनी भलायकी प्रदर्शनाचे उक्तावण

ता. 10 एप्रिल 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कारखाने आनी बॉयलर्स निरीक्षक कार्यालयान बांबोळी हांगाच्या डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोअर स्टेडियमात आयोजीत पयल्या गोंय वेवसायिक सुरक्षा आनी भलायकी प्रदर्शन आनी परिशदेचे कारखाने आनी बॉयलर्स खात्याचे मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

वेवसायिक सुरक्षा आनी भलायकी क्षेत्रातले ज्ञान आनी उपाय येवजणांचेर चर्चासत्रांचे आयोजन, आधुनिक सुरक्षा तंत्रज्ञान, उपकरणां आनी उपायांचे प्रदर्शन आनी नवीन सुरक्षा उपाय धोरणां आनी सुदारणा करपाच्या प्रस्तावांचे समर्थन करून वेवसायिकामदीं भौशीक सुरक्षा आनी जागरूकता वाडोवप, सुरक्षा उपायांविशींची आव्हानां जाणून घेवप आनी तांचेर उपाय करप हे ह्या तीन दिसांच्या कार्यक्रमाचे उद्दिश्ट आसा.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उद्देगांतली सुरक्षा, भलायकी आनी कल्याणकारी येवजणो हे विशय केंद्रस्थानी दवरून गोंयांत आयोजीत करपात आयिल्लो हो पयलोच उपक्रम आशिल्ल्याचे सांगून ह्या परिशदेच्या माध्यमातल्यान कामाच्या थळार आवश्यक आशिल्ल्या सुरक्षा उपायांविशीं जागृताय, गिन्यान आनी उपाय करपाक प्रोत्साहन मेळटले, अशें सांगलें. उद्देग आनी रस्त्यांचेर जावपी अपघात ही हुस्क्याची गजाल आसा. सगळ्या क्षेत्रांनी काम करपी लोकांची काळजी घेवपा सुरक्षा उपाय म्हत्वाचे आसा आनी त्या द्दश्टीन हे प्रदर्शन आनी परिशद एक योग्य पावल आसा. प्रदर्शनात मनशाचो जीव वाचोवपा संबंदीत प्रथमोपचार आनी दिसपट्टे सुरक्षे विशीं गिन्यान आनी प्रशिक्षणाचो अणभव घेवपाक मेळटलो. गोंय राज्या सयत महाराष्ट्र आनी कर्नाटक राज्यांतल्या सुरक्षा उपायां संबंदीत उपकरणांचे उत्पादन करपी उद्देजकांनी ह्या प्रदर्शनात भाग घेतला, ही समाधानाची गजाल जावन आसा, अशें मुख्यमंत्र्या म्हणलें.

गोंय सरकार राज्यांत उद्देगां खातीर सुरक्षीत आनी पोषक वातावरण तयार करपा खातीर कटीबद्द आसून ह्या परिशदेतली चर्चासत्रां आनी आधुनिक सुरक्षा उपायांचे तंत्रज्ञान आनी गिन्यानाचो नक्कीच फायदो जातलो. प्रधानमंत्र्याच्या आत्मनिर्माण भारत संकल्पनेतल्यान प्रेरणा घेवन गोंय सरकारान विकसीत गोंय 2037 उपक्रम आदीच सुरू केल्लो आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

बॉयलर ऑपरेटर म्हूण गोंयच्या युवकांक रोजगाराची संद निर्माण करपा खातीर कारखाने आनी बॉयलर्स निरीक्षक कार्यालयान बॉयलर्स अटेन्डंट अभ्यासक्रम सुरू केला. तशेंच उद्देगीक सुरक्षा, इलेक्ट्रिकल, उजो प्रतिबंद, आपत्ती वेवस्थापन अशें अनेक जागृताय आनी प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत करपात येतात आनी ताचो फायदो राज्यातल्या उद्देगांक जातलो, अशें तांणी सांगलें.

कारखाने आनी बॉयलर्स खात्याचे मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी कामाच्या थळार सुरक्षा आनी भलायके विशीं जागृताय आनी उपाय करपा खातीर ही परिशद आनी प्रदर्शन एक म्हत्वाचे पावल आशिल्ल्याचे सांगून उद्देगीक वाड, रोजगार संदी आनी अपघात टाळपा खातीर उपेगी थारतले, अशें सांगलें.

सेझा गोवाचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी नवीन जाजू हांचेय ह्या वेळार भाशण जाले.

सुरवातीक कारखाने आनी बॉयलर्स खात्याचे सचीव संजीत रॉड्रिगीस  हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो, जाल्यार मुख्य निरीक्षक अनंत पांगम हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/  / विगां/ 2025/344

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.